राश्ट्रीय खबरो, 26 जुलय 2026, 6.30 वरां

**पीएम**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय विज्ञानीक आनी अभियंत्यांच्या जिद्दीची तोखणाय केल्या. तांचे खातीर देशान संरक्षण उत्पादन आनी अंतराळ मळार नवी तेंगशी गांठल्या अशें तांणी आकाशवाणीवेल्या  मन की बात कार्यावळींतल्यान म्हळां. तशेंच तांच्यानी आयज कारगिल विजय दिसा निमतान  देशाच्या शूरवीरांचो उगडास काडलो.

राष्ट्राच्या धाडसी सैनिकांच्या असामान्य धैर्याचो उगडास  करून दित ह्या दिसा सगळ्यांचे काळीज अभिमानान फुलता अशें  प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

तांणी शहीद आनी सैनिकांक वंदन करीत तांच्यांनीं भारतमातेच्या रक्षणाखातीर आपल्या सर्वस्वाचें बलिदान दिल्ल्याचें म्हळां. भारत आपल्यो तांत्रिक क्षमता सतत घटमूट करीत आसा. तांणी भारतीय नौदळांत हालींट जाल्ल्या आय.एन.एस महेंद्रगिरीच्या आसपावाचो खासा उल्लेख केलो.

ही आधुनिक युद्धनौका भारतांतच डिझायन करून बांधल्या. तांतूत   ७५ टक्क्यां वयर साहित्य स्वदेशी आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें.

प्रधानमंत्र्यानी हाका 'आत्मनिर्भर भारताच्या वाडट्या बळग्याचें प्रतीक म्हळां. डी.आर.डी.ओन ह्याच म्हयन्यांत

'पिनाका लॉग रेंज गायडेड रॉकेट' ह्या लांब अंतराचेर मार्गदर्शन केल्ल्या क्षेपणास्त्र प्रक्षेपकाची येसस्वी चांचणी केल्या. ह्या येसा फाटल्यान आमचे शास्त्रज्ञ आनी अभियंत्यांचे सामुहीक यत्न आसात. फकत एक दोन दीस आदीं डीआरडीओन 'कुश' क्षेपणास्त्राचीय येसस्वी चांचणी केल्ली.

विक्रम वन हाचे  विशीं उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. -

राष्ट्रांत 7 ऑगस्टाक 'राष्ट्रीय हातमाग दीस' मनयतले. देशांत विणकारांची कुशळटाय आनी सर्जनशीलताय ह्या दिसा मनयतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.  हातमागाच्या कारागिरींक प्रोत्साहन दिवन विणकारांक मान दिवचो आनी 'व्होकल फॉर लोकल' जावपाची भावना आनीक घटमूट करची अशें तांणी सांगलें.

15 ऑगस्ट भारताच्या स्वातंत्रताय दिसा निमतान उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें-

प्रल्हाद जोशी

नवे केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी आयज आपल्या पदाचो ताबो घेतलो. आदले शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजिनाम्या उपरांत मंत्री जोशी हांचे कडेन शिक्षण मंत्रालयाचो ताबो दिला. हे भायर तांचेकडेन गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशिक वितरण आनी नवीन आनी नविकरणीय ऊर्ज्या मंत्रालयालांचो ताबो आसा.

पदभार घेतले उपरांत तांणीं सोमतीच शिक्षण मंत्रालयाच्या वेगवेगळ्यो येवजण्यो, आनी मुखेल उपक्रमांच्या अंमलबजावणेचो नियाळ घेवपा खातीर बसका घेतली. हे बसकैंच शिक्षण राज्यमंत्री जयंत चौधरी आनी मंत्रालयाचे उंचेले अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें. -

निर्मला सीतारमण

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज मुंबयच्या नरीमन पॉयंट हांगासर आयकर खात्याच्या आयकर सिंधू ह्या नव्या कार्यालय संकुलाचें उक्तावण केलें.

ह्या इमारतिच्या नावांवेल्यानूच दरेक करदात्यान भरिल्ल्या करांतल्यान देशाचो खजिनो हो महासागरा प्रमाण उभारिल्ल्याचें सिध्द जाता अशें ह्या वेळार उलयतनां अर्थमंत्री सितारमण हांणी सांगलें.

आयकर विभागाच्या उंचेल्या अधिकाऱ्यांनी ह्या संकुलाच्या उभारणे वेळार गरजेच्या वेगवेगळ्यो परवानग्यो मेळयतना जाल्ल्या अडचणीं विशीं म्हायती दिली आनी त्यो सोडोवपा खातीर केल्ल्या यत्नां खातीर अर्थमंत्र्यांचे उपकार मानले.

विकसीत व्हायब्रेंट व्हिलेज प्रोग्राम

सामूहिक सहभाग हो भारताच्या संस्कृतिक जडणघडणीत सदांच शक्तीचो स्रोत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. ते विकसीत व्हायब्रेंट व्हिलेज प्रोग्राम 2026 च्या भाग घेवप्यां कडेन व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वरवीं उलयताले.
हातूंत दरेका राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांतले प्रतिनिधित्व करपी चारश्यां वयर तरणाट्यांनी वांटेकार जावन आपले अणभव प्रधानमंत्र्यांकडेन मांडले.

पावस

भारतीय हवामान खात्यान मध्य महाराष्ट्र आनी ओडिशांत ह्या कांय दिसां खातीर व्हड प्रमाणांत पावसाचो चड पावस रॅड अलर्ट जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांत छत्तीसगड, गुजरात, कोंकण आनी गोंयांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.